## मुख्यमंत्र्यां हस्तुकीं विशेश गरजवंत विद्यार्थ्यांखातीरच्या वसतिगृहाची पायाभरणी

ता. 30 **सप्टेंबर** 2022

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी आयज आस्था आनंद निकेतन संस्थेवतीन खोर्ली- म्हापसा हांगा विशेश गरजवंत विद्यार्थ्यांखातीर बांदपात येवपी वसतिगृहाची आभासी पद्दतीन पायाभरणी केली.

ह्या वेळार उलयतना मुख्यमंत्र्यान वसतिगृह बांदुन पूर्ण जाल्या उपरांत ताची देखभाल करपाखातीर लागपी सगळो खर्च वा अनुदान सरकारावतीन दिवपाचे उतर दिले. हे वसतिगृह चलोवपाखातीर सरकाराकडल्यान शंभर टक्के अनुदान दिले वतले, अशें तांणी म्हणलें.

गोंयांतल्या विशेश भुरग्यांच्या शाळांक गरजेच्यो सगळ्यों सोयीसुविधा दिवपाक सरकार वचनबद्द आसा, अशें तांणी सांगलें. आस्थाच्या आनंद निकेतन संस्थेक आपूण स्वता देणगी दिवपाचे उतर दिवन तांणी हो प्रकल्प बेगीनात बेगीन पूर्ण करपाखातीर लोकांनी संस्थेक देणग्यों दिवपाखातीर फुडें येवपाचे आवाहन केले. अशा संस्थांक सामाजीक उपक्रम राबोवपाखातीर देणगीच्या रूपान मदत करपाची गरज आशिल्ल्याचे, तांणी म्हणलें.

मुख्यमंत्र्यान विशेश भुरग्यांखातीर शिक्षणीक आनी हेर सुविधां उपलब्ध करपी संस्थांच्या कार्याचीय तोखणाय केली.

ह्या वेळार मुख्यमंत्र्यां हस्तुकीं संस्थेच्या आश्रयदात्यांचो सत्कार जालो.

उपसभापती श्री जोशुआ डिसोझा, आमदार डॉ. चंद्रकांत शेट्ये, गोंय राज्य दिव्यांग आयोगाचे आयुक्त श्री गुरुप्रसाद पावसकर, म्हापशेच्यो नगराध्यक्ष श्रीमती शुभांगी वायंगणकर आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/596

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji